## सगल्या कला प्रकारांचें एकत्रीकरण

पुस्तकाच्या निमाण्या भागांत आमी आयल्यात हें आमकां सगळ्यांक खबर आसा. चारूय कला प्रकारांचीं वेगवेगळीं आंगां आमी शिकल्यांत. आतां ह्या सगळ्यांक एकठांय करपाचो वेळ आयला. हें सगळें एकाच कार्यावळींतल्यान कशें एकठांय करूं येता तें पळोवया.

सगल्यांत पयलीं एक कथा घेवया, उपरांत एका विशिश्ट कला प्रकारांतले घटक आमी खंय वापरूंक शकतात ते भाग सोदून काडूया.

मजा येता? ह्या ल्हान कथेंत सगले कला प्रकार एकठांय विणल्यात हें कळ्ळें? तांचो खुलासो करूया?

गुप्त मुद्रा – दृश्य कलेचें कार्य म्हूण तुमी ह्या पुस्तकाच्या अध्यायांत केलां.

थळावीं आनी प्रादेशीक गितां आनी नाच – संगीत आनी नाच काळांत तुमी शिकल्यांत.

तियात्राच्या कार्यांनी आनंद, भंय आनी अजापाचे सगळे संवाद आनी अभिव्यक्ती तुमी शिकल्यात आनी आतां तीं कशीं तयार करचीं हेंय तुमकां कळ्ळां.



0680CH21

### कथा उदाहरण

दोन इश्ट रानाचे कडेर खेळटाले, तेन्ना तांकां गुप्त संहिता आशिल्लो एक गूढ शिक्को मेळ्ळो. गुप्त मुद्रा उगडपाचें धाडस ते करताले. पूण तांकां कांयच मेळूंक ना आनी आमी रानांत शेणल्यात हें तांकां कळ्ळें. ते हार मानपाक लागीं लागीं तयार जाल्ले. त्याच खिणाक तातूंतल्या एकल्याक कांय देशी लोक आपल्या देवा मुखार नाचतना दिसले. भुरग्यांक धरलें! त्या लोकांनी त्या दोगांकूय आपल्या गांवांत व्हेलें. भुरगीं खूब भियेलीं आनी पळपाची येवजण आंखली. भायर सरतना गांवांतल्या सगळ्या खोंपींची रचणूक गुप्त शिक्को आशिल्ले नक्षीकामी सारकी आसा हें तांच्या लक्षांत आयलें. तांणी आपलो शिक्को त्या लोकांक दाखयलो. आमकां तो रानांत मेळ्ळो आनी आमी रानांत शेणल्यांत हें तांणी तांकां समजावपाचो यत्न केलो. आपली पवित्र मुद्रा पळोवन ते रानटी लोक तांचे कडेन इश्टागत करपाक तयार जाले. तांणी तांकां भोंवतण दाखयली आनी आमी धर्तरेची आमचो देव म्हूण उपासना करतात अशें सांगलें.

© NCERT not to be republished

**तुमी जाणात?**

पंच (पांच) तत्व (तत्वां) वा पंचभूत म्हळ्यार पांच मुळावीं तत्वां. तीं म्हळ्यार धर्तरी, उदक, अग्नी, हवा आनी अंतराळ.

आतां आमी त्या सगळ्यांक कितले सोबीत रितीन जोडून कथा तयार करूंक शकतात हाची जाणविकाय जाता? चलात, तुमची स्वताची कथा निर्माण करात.

सुचयल्लो विशय म्हळ्यार पंच तत्वांतलीं 'पृथ्वी आनी उदक' – निसर्गाचे पांच घटक.

## वैयक्तीक वावर

धर्तरी आनी उदक ह्या दोन घटकां विशीं चर्चा करूया.

पयलीं वेगवेगळ्या कला प्रकारांनी आमी दाखोवंक शकतात ते वाठार, समस्या वाठार वा प्रस्न सोदून काडात. देखीक, मातयेच्या प्रदुशणाची निवड केल्यार आमी फोटोग्राफीची मोहीम करपाक शकतात वा कांय पोस्टर (दृश्य कला) तयार करूंक शकतात. तशेंच आमी प्रेरणा गीत बरोवन तें उर्बेभरीत सुरांत (संगीत) रचूंक शकतात वा ह्या विशिश्ट गितार (नाच) नृत्याचो सराव करूंक शकतात आनी एक ल्हान नाटकुलें, नाटक वा नुक्कड नाटक लेगीत करूंक शकतात आनी कलेच्या वयर सांगिल्ल्या सगळ्या घटकांचो आस्पाव करूंक शकतात.

धर्तरी आनी उदका कडेन संबंदीत तुमच्यो कल्पना, भावना आनी हुस्को उक्तावपी प्रकल्प विकसीत करपाक संगीत, नाट्य, नाच आनी दृश्य कलेचें तुमचें ज्ञान आनी कुशळटाय वापरात.

खंयच्याय कलाप्रकाराक निसर्गांतल्या पांच घटकां कडेन जोडपाचो वेगळो मार्ग सोदतात तेन्ना तुमी ही क्रिया चालू दवरपाक शकतात. तुमचे विचार चालू आसतनाच आमी गटांनी मजेदार कृतीचेर काम करूया, जो खेळ म्हणूनय खेळूं येता



| घटक | रंगमाचयेचे घटक (भावना, कृती, शब्द) | संगिताचे घटक (ध्वनी, लय, भावना, शब्द) | नृत्याचे घटक (लय, हालचाल, अभिव्यक्ती) | दृश्य कलेचे घटक (ओळी, आकार, रंग, रचणूक) |
|---|---|---|---|---|
| धर्तरी आनी उदक | | | | |

© NCERT not to be republished

घटकांक जोडपाची तुमची आनी तुमचे इश्टांची पद्दत वेगळी आसूं येता हें याद दवरात. तुमच्या विचारां प्रमाण हो तक्तो भरचो. तुमकां बरोवपाक वा चित्र काडपाक आनीक सुवात जाय जाल्यार तुमी तुमची चोपडी वा वेगळें कागद वापरूंक शकतात.

## गट वावर वा सांघीक वावर

तुमी वैयक्तीक कृती प्रमाण धर्तरी आनी उदका कडेन संबंदीत विशय वा समस्या वा समस्या वाठार वेंचून काडटले. तुमच्या तरण्या मना खातीर कांय विचारोत्तेजक कल्पना अश्यो आसात. तुमच्या वाठारांतल्या मातयेचो दर्जो, वा पिवपाच्या उदकाचो स्त्रोत वा तुमच्या भोंवतणच्या सैमीक संसाधनांचो विचार केला? खंयचेंय तळें, वा न्हंय आनी तांचें जिवशास्त्रीय पर्यावरण, तुमकां दिसपी दोंगुल्ल्यांची श्रेणी, हालींच तुमी भेट दिल्ले घसघश्याचे सोबीतकायेचें वर्णन करूं येता? उदका बगर एका दिसाची कल्पना करूं येता वा खूब घाणयाऱ्या आनी प्रदुशीत भुंयेर रावपाची कल्पना करूं येता? तर, कलेच्या माध्यमांतल्यान आमी कांय सकारात्मक बदल करपाचो सदांच यत्न करूंक शकतात, कारण कला ही फकत उदरगत करपाची कुशळटाय न्हय तर समाजीक बदल आनी सुदारणां करपाची तांक तातूंत आसता. कलेचें गिन्यान आमचे भितर दरेका गजाली विशीं संवेदनशीलताय आनी जागृताय हाडटा कारण आमी आपल्या भोंवतणच्या ल्हान ल्हान गजालींची, सोबीतकायेची आनी बदलांची तोखणाय करपाक लागतात.

आतां तुमी विचारमंथनाच्या अभ्यासा खातीर तयार आसात?

## सुचोवण्यो

1. चित्र्यांचे पांच संच करात. दर एका संचांत त्या चित्र्यांनी बरयल्ल्या एका विशिश्ट कला प्रकारा कडेन संबंदीत कार्यां आसात. (कार्यां बरोवपाक सकयल दिल्ली वळेरी वापरात.)
2. दर एका गटांत सुमार 10 – 12 वांगडी आसचे, अशे तरेन वर्गाची दोन वा तीन गटांनी विभागणी करची. दरेक पंगड आपलें कार्यक्षेत्र म्हूण ‘धर्तरी’ (पृथ्वी) वा ‘उदक’ (जाला) वेंचून काडटलो.
3. दरेक गटांतलो एक प्रतिनिधी दरेक संचांतली एक चीट वेंचून काडटा. म्हळ्यार दर एका गटा कडेन आतां नाट्य, संगीत, दृश्य कला आनी नाच हाका संबंदीत दरेकी एक कार्य आसा. ‘मूल्यां’ खाला आशिल्ली चीट सगल्या कलाप्रकारांक एकठांय हाडपा खातीर विशय म्हूण वापरूं येता.
4. आतां तुमच्या गटा वांगडा बसून सगल्या कला प्रकारांचो आस्पाव आशिल्लो एकात्मीक प्रकल्प विकसीत करात. स्वताचें उत्पादन तयार करून तें वर्गा मुखार सादर करात.

© NCERT not to be republished

# कार्य

| नाट्य | संगीत | दृश्य कला | नाच | मुल्यां |
|---|---|---|---|---|
| रुपडें तयार करप | गीतलेखन आनी रचना | घटकांनीच कलाकृती तयार करप – माती आनी चिकणमाती वा उदकाचे रंग | फकत पांयांची हालचाल आनी हावभावांचो वापर करचो | तिगून उरप |
| खामसुळी बावल्यांचो खेळ | तुमच्या भोंवतणची सामग्री घेवन आवाज तयार करप | सैमीक रंगांचो वापर करचो | धर्तरी आनी उदका कडेन संबंदीत लोकनाच सोदून काडचो | सांस्कृतीक संवेदनशीलता |
| वेशभूषा आनी रंगवण तयार करात | घटका कडेन संबंदीत भावना निर्माण करपाक एखादें वाद्य वापरप | कला तयार करपाक घटक संबंदीत भाग वा सामग्री वापरात | फकत हाताचे हावभाव वापरप | निसुवार्थी काम |
| पाळां आनी संवाद आशिल्ली संहिता बरयात | तुमकां खबर आशिल्ल्या नामनेच्या संगीतकारान गायिल्लें गीत सोदून काडात गीत सोदून काडात | भायर उडयल्लें साहित्य, देखीक बाटल्यो वा पायप सारकिल्लें घटकां कडेन संबंदीत साहित्य वापरात (पुनर्वापर) | गीत वा संगीत घेवन नृत्य रचप | निवळसाण |

© NCERT not to be republished